AKASHWANI PANAJI 30TH MAY 2026 7.25 AM

उपराष्ट्रपती

आयज गोयच्या घटक राज्य दिसा निम्तान  उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन पणजेंत गोयच्या घटक दिसाच्या सुवाल्यात  वाटेकर जातले . त्या उपरांत  ते गोवा सी एस आय आर-राष्ट्रीय समुद्रशास्त्र संस्थएक  भेट दितले.ह्या वेळार म्हायती दित्ना मुखेलमंत्री DR प्रमोद सावंत हाणी म्हणले कि

राज्यपाल

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंय घटक राज्य दिसानिमतान गोंयच्या लोकांक परबीं दिल्या. घटक राज्य दीस आमकां लोकशाय प्रवासाचो उगडास करून दिता, जातूंतल्यान गोंय राज्यान  1987 वर्सा भारतीय संघराज्याचे 25 वे राज्य म्हूण आपली हक्काची सुवात मेळयली. दरेक पिळगेन गोंय लागीच्यान पळयला, पुण फुडाराचे गोंय घडोवप ही गोय्कारांची जापसालदारकी आसा. ते खातीर आमी एकजूट, शिस्त, आपलेपण आनी दुरदीश्टी सयत एकवटान वावर करूया- जे वरवी येणारी दशकां आमच्या राज्याच्या इतिहासातलो भांगराळो अध्याय थारतलो.शांतीकाय, विस्वासाच्या बळग्यार गोंयची खात्यान उदरगत आनी भरभराट जांव आनी आपल्या देखीतल्यान राष्ट्राक प्रेरणा दिवपाचे कार्य घडू येव अशेय तानी आपल्या संदेशांत म्हणला .

170 मुख्यमंत्री परबीं

गोयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी 40व्या गोंय घटक राज्य दिसा निमतान गोंयच्या लोकांक परबीं भेटयल्या. घटक राज्य दर्जो हो स्वातंत्र्य सैनिक आनी लोकांचे परिश्रम, दुरदीश्टी, आनी त्यागाचे फळ जावन आसा.आयज भारत देश प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दुरश्टीच्या फुडारपणा खाला विकसीत भारत 2047 च्या उद्दीश्टाच्या दिकेन नेटान वाटचाल करता आनी हे उद्दीश्ट पुर्ण करपाक

आपले योगदान दिवपा खातीर गोंय सरकारान सुशासन, शाश्वत विकास, इनोव्हेशन, महिला सशक्तीकरण, राज्याच्या उदरगतीत तरणाट्यांचो सहभाग आनी लोककेंद्रीत कल्याणकारी उपक्रम आनी येवजण्यांचेर भर दिल्लो आसा. आयज गोंय राज्यान आपली समृध्द परंपरा, जातीय सलोखो आनी सांस्कृतीक विविधताय सांबाळून शिक्षण, भलायकी, पर्यटन, साधनसुविधां, शेती, तंत्रज्ञान अशां अनेक मळार तोखणायेची उदरगत केल्ली आसा.

**पर्यावरण दिसा**

संवसारीक पर्यावरण दिसा म्हणल्यार 5 जून दिसा गोंय ग्रीन कॉरिडोर उपक्रमांतल्यान राज्याच्या राष्ट्रीय आनी राज्य म्हामार्गांचेर 90 दिसांची मोहीम सुरू करतले. 5 सप्टेंबर मेरेन चलपी हे कार्यावळीचो हेत गोंय पाचवेचार करपाचो आनी रस्त्या कुशीक झाडां लावन रस्त्यांक सोबीत करपाचो हेतू आसा. हया काळांत सुमार धा लाख झाडां लावपाची शक्यताय आसा अशी म्हायती दितना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी महला.

Ganesh

विधानसभा वेंचणूक लागी पाविल्ली आसतानाच काँग्रेसीन प्रदेश काँग्रेसीच्या नेतृत्वांत बदल करताना गिरीश चोडणकार हांची प्रदेश अध्यक्षपदाचेर नेमणूक केल्या. हे भायर एम. के. शेख, आमदार एल्टन डिकोस्ता आनी आमदार ॲड. कार्लुस फेरेरा हांची कार्याध्यक्षपदी नेमणूक केल्या. पक्षाचे सरचिटणीस के. सी. वेणुगोपाल हांणी नियुक्तीचो आदेश जारी केला.विधानसभा वेंचणुकेच्या फाटभुंयेर प्रदेश काँग्रेसीत नेतृत्व बदल जातलो, अशी आस्त आशिल्ली. हे प्रमाण हो निर्णय जाला.

Rashmi

गोंय सरकारान आयुर्वेद आनी होमियोपॅथी शिक्षण दीवपी अनुदिनित म्हाविद्यालयां खातीर नवी पॅटर्न ऑफ असिस्टन्साची अधिसुचोवणी जारी केल्या.हया अधिसुचोवणेप्रमाण अशा पात्र म्हाविद्यालयांखातीर देखरेख अनुदान आनी पात्र खर्चा

खातीर 2025-26 अर्थीक वर्सा सावन परतफेड आदार मेळटली. हे येवजणे खाला 500 मेरेन विद्यार्थी आशिल्ल्या म्हाविद्यालयांक वर्साक ₹34.50 लाख मेरेन देखरेख अनुदान मेळटले.

Sushant

एप्रिल २०२६ ह्या एकाच म्हयन्यांत कोंकण रेल्वे महामंडळान सदच्या तिकेट तपासणे वांगडाच ९३४ विशेश तिकेट तपासणी मोहिमो आंखल्यो. ह्या मोहिमां मदी तिकेट काडी नासताना आनी नेमाभायर प्रवास करपी ३७ हजार प्रवासी सापडले. कोकण रेल्वेचे जनसंपर्क अधिकारी बबन घाटगे हाणी ही माहिती दिली.

**हवामानां**

हवामानांतल्या वेगवेगळ्या बदलांक लागून 29 मे सावन 30 मे मजगतीं राज्यांत जोगलां आनी गडगड मारून पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड 34ते35 जाल्यार उण्यांत उणे 27ते 28 अंश सेल्सिअस तापमान उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

कालोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशीक खबरां विभागावरवीं वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्लात. अर्ज करपाक निमणी तारीक 1 जून 2026 आसा. चढ म्हयती खातीर ७०२०६७२७१० ह्या क्रमांकाच्येर संपर्क करचो.